छप्पन्न थिगळी येसवंत

पुंडलीक नायक

25/5/86

ऐकपात्री

छप्पन्न थिगळी येसवंत

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय प्रकाशन

© सौ. हेमा पुंडलीक नायक

पयली उजवाडावणी
अक्टोबर १९८०

उजवाडावपी
सौ. हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय फोंडें
४०३४०१, गोंय.

छापपी
एस्. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय,
कडोलकर गल्ली,
बेळगांव.
फोन. नं. २३०७९

मुखचित्र
दिगंबर सिंगबाळ

चत्राय
ह्या अेकपात्रीचो खेळ करुंक
सोदतल्यांनी प्रयोगाआदीं
सौ. हेमा पुंडलीक नायक
हांची लिखित मान्यताय
घेवप गरजेचे आसा.

मोल : चार रुपया

छप्पन्न थिगळी येसवंत

येसवंताविशीं.....

लेखन : १३ जून १९७९.

पयलो प्रयोग : १५ ऑगस्ट १९७९ दिसा
मिनेझीस ब्रांगझा हॉलांत

निर्मिती : सानमाची, पणजी

सादर करपी : भरत नायक

दिग्दर्शक : दिगंबर सिंगबाळ

पार्श्वसंगीत : फ्रांसीस आनी मिनिन डिसौझा

चत्राय :

अेकपात्री सादर करताना अेक स्टूल वापरून ताचो जाय तसो वापर करुं येता. सगळे प्रसंग मार्यमिंग करुन वठोंव येतात. अशे पद्धतीन भरत नायक हाणीं आजवेर ह्या अेकपात्रीचे गोंयांत वेग-वेगळ्या सुवातांनी सुमार पंदराअेक प्रयोग केल्यात आनी ताका योग्य असो प्रतिसादूय मेळळा.

(येसवंत अेक मानाय. अेका खेड्यांतल्या बस–स्टॉपार आसा. तो हांगा-थंय पळयता. बसी खातीर लोक उबे आसात. तांकां तेळटा. खरें म्हळचार तांचेकडेन बसींत चडोवपाचें सामान आसल्यार पळयता. अेके सुवातीकडेन धांवून वता, जंय बसीर चडोवपाची पोटली असा.)

– बाय, पोटली बशीर चडोवपाची ?

– हांव चडयतां.

– कितले घेतलों ? हांव सांगता तें दिवपाक हो कितें पणजेचो अिस्टोप ? दियात तुमी कितेंय.
आनी मातशान येतली बस.
(कानाची विडी काडून पेटयता)

– तुमची येदीशी पोटली जावपाक कितें जालां ? बशीन ही ऽ ऽ सुवात आसता.

– आतां ह्या वगतार कोण मरणो वयता !
(तिका वायट दिसलां म्हणपाचें ताचे मतींत येता)

– तशे जायते वयता. पुण झुंड्यो नासता. सोमारा सकाळीं मात कोणें वयपाचें नासता. पुण सगळेच लोट्टात. सामक्यो गोर–बांच्यो कश्यो लडामुंडी. आंबल्यांचो खळ बरो. शिरगांवचे

जात्रेक गेल्ले भशेन भरोन वयता बस. खंयच्या फोंणांत वयता अितले लोक कोण जाणां ! बाय, तुमी खंयच्या ... ...
(सांवरुन)
– तुमी खंय वयता ?
– अें. बेस्टें विचाल्लें.
– म्हाका कितें, तुमी खंयूय वचना, गेलीं म्हणटकूच जालीं.
(हांसत)
– कित्याक वचोंक जाय ? तुमी वचना जाल्यार म्हाका तुमची पोटली ... तुमच्या सामानाची पोटली अुखलपाक कशी मेळ–टली ? आनी पोटली अुखल्ले बगर तुमी म्हाज्या हातीक कितेंय लायशात ?
– बस येयली ?
– येंवदी.
– अुबारतां–अुबारतां.
(विडी पालयता आनी कानांक लायता. पोटली अुबारून खांदार धरता)
– तुमी भियेंव नाकां.
– आदळीना पोटली.
– आयदनां आसा मूं ?
– मातयेचीं सुद्धां आसल्यार फुटचीना अितले अचळय दवरतां.
– ह्यतर. तुमचे फाटोफाट येतां.
(बस येवन थारतकच पोटली घेवन भितर सरूंक पळयता.)
– आरे किलींडरा, म्हाका आडयता कित्याक ?
– पोटली त्या बायेली मरे.
– बायेली नाजाल्यार बाबाली जांव !
– फुडें नाका जाल्यार खंय दवरूं ?
– माथ्यार ? कोणाच्या ?
– बशिच्या ?
– फाटल्या बोक्सान जागो ना रे ?

– फुल्ल आसा ?
– कसलीं फस्का येदीं बोक्सां रे बशिचीं ?
– शापोतां कोण सांगता ?
– घालतां. वयर चडोंय नाकां ?
– तुगेल्या ड्रायव्हराक सांग, अिस्टार्ड मारुं नाका म्हणजे. येसवंत वयर चडला. नाजाल्यार दोनूय पोटल्यो सकल पडत.
– पडल्यार कांय नजों ?
– तूं किलींडर मोटो मालक्रियाद आं. दुसऱ्यांची म्हणोन मात दयामाया ना.
(बसिचे फाटले निसणी वयल्यान पोटली घेवन वयर टॉपार चडटा. पोटली थंय दवरता)
– चल ही हांगां दवल्ली बायेली पोटली.
(बस सुरु जाता. येसवंत लकता. तोल सांबाळटा. हुयेली मारता)
– आरे, हेजेर सांवार येयला काय कितें रे ?
– आरे, राव. म्हाका हांगां खंय रथार अुबो केला ?
– येसवंताक मारून वडयता ?
– राव, राव देंवतां.
(बेगीबेगीन देंवता. सकल घालून घेता.)
– बायल भुरग्यांकाराक मारून कितें जोडटलो आसलो ?
(घाम पुसता. पैशांचो अुगडास जाता)
– आरे, पाड पडों यादीक. पोटली चडयल्ल्याचें भाडें ?
– बाय, आगो बाय, पैशे दी.
– राव रे मातसो.
(चलते बसिवांगडा धांवता. बाय पैशे दिता.)
– चार आणें ?
– चार आण्यांचे चणे खांव ?
– आदीं सांगो नासलें म्हण कितें जालें ? तूं समजोन दितलें म्हण रावलों.

– गरीबाक असो नाडप ?
– आनींक अेक चार आणें वडय.
– मोड ना ? कितें मोडचें आसा तें दी.
– पळय मगो कसो बशिवांगडा धांवतां हांव.
(हातीर आनींक पैशे पडटा. धांवपाचो थारता. खरशेत पैशे मेजता.)
– अितलो धांवोन चार आणें आनी धा पैशे !
रेशीक धांवल्यार येद्दें व्हडलें चानीचें कोप मेळटलें आसलें
हींतून कोपाचें तरी जायत !
कसलीं मनाशां.
चामडी दीत, दमडी दिवपाक ना.
हेंच्या हातींची नाखटां झडत पैशे झडचे ना.
पोटल्यो घेवन वयता (मेजून) पस्तीस पैशांनी !
शाण्या मनशान दर्यार बुडी मारून रेंव काडची पुण अिस्टोपार मानायपण करचें न्हू. हांव म्हणून करतां.
(विडी काडपाक कानांक हात लायता)
– कटा !
अितल्या बोवाळान कानांचें शेंवटूय सांडलें.
(पैस पळोवन)
– आरे भाटकार.
– भाटकार, येयलों, येयलों.
(भाटकारा म्हऱ्यांत वता.)
– ना भाटकार. हांयें आयकोना अुलो.
– शी ! आयकल्यार ओ दिले बगर रावतां ? निमाणीं कोणाच्या धर्मान दीस काडटात तर आमी !
– पोटली चडयतालों बशीर.
– तुमचें कितें करपाचें ?
आज कावश्यांक आळी काडपाचीं आसात ?
नाल्ल सोलपाचे अुल्या ?

सोण्णां साकांत भरपाचीं ?
पणसुलां देंवोवपाची ?
आंबे काडपाचे ?
घर कण्णोवपाचें ?
वांशे हाडपाचे ?
कोंडे मारपाचे ?
– ना ?
– मागीर कसलें काम ?
– हो साक. खंय व्हरपाचो ?
– गिरणीर ? दादू भटाले ?
– साक कसलो ?
– कुंड्याचो ?
(हांसता)
– भाटकार फकाणां करता येसवंताचीं.
– चल, तूं बेस्टो हात लाय. हांव फूल कसो फाटकुळेर घेतां.
(दोगूय साक अुबारता. येसवंत साक फाटकुळेर घेता. भाट–काराच्या फाटल्यान चलता.)
– भाटकार,
अंदू घर शिवपाक तुयें आपयलोना म्हाका. हांव हरशीं वर्साचो थल्लेलो मानांय.
भाटकार आयकोनूच घेयना.
(कांय वेळ चलता)
– भाटकार अंदू अिलेसांवांक कोणाचे फाटीर शाप मारपाचो ?
– ना भाटकार. आमी दुसऱ्याचेर मारपाचें थारायलां.
– कोण कोणांक घरां बांदून दिना.
– पुण तेणें आमकां म्हादेवाचें म्होडकें देवूळ बांदून दितां म्हण सांगलां.
– ते खातीर दिवप तेका वोतां.
– पावले न्हू भाटकार ?

(पोटली वडयता)

– भाटकार, भात कांडीसर रांव ?

– नाका ?

– तांदळांची पोटली कोण व्हरतलो ?

– तूं ?

– भाटकारान पोटली हेल्यार आमी मानांय कित्याक तर पासडी पडोंक ?

हांव व्हरतां.

– नाकां ?

– बरें तर.

(वता. अुगडास जावन परत येता)

– भाटकार, साकाचे.

(पैशे हातार पडटा)

– भाटकार, आठूच आणें ?

– अितले पैस सावन हाडला साक.

– कंबरसुद्धा मोडलें. आंगाक जिरेंच काडटलो जाल्यार आठ आणें जाय. बायल-भुरग्यांनी खावपाचें कितें ?

– आनींक अेक कवडी दिना ?

– भाटकार, मोड ना जाल्यार हांव मोड हाडून दितां.

– कानार दितलो ?

(कुशीक सरता)

(आपले भितर)

– भाटकार! झेत भाटकाराचो, दानत भिकाड्डयाची.

पांच रुपयांची गांथन खातले पुण मानायांचे हातीर पांच कवड्चो दवरचेना.

(तुवालच्यान घाम पुसता. चलतां चलतां अेक शाळेंतलो भुरगो मेळटा.)

– आरे बाब, शाळगडो मरे तूं ?

– सांग रे–

– किती दुणें साठ ?
– हांसता ?
– कळना ?
– कितें शिकयता रे मास्तर ?
– भिशी वाडोंवक ?
(आपणाचेरुच खोशी जावन हांसता.)
– कितें ?
– अेडीसनान कसलो सोद लायलो काय म्हण म्हाका विचारता ?
– हें अेडीसन म्हणजे कितें ?
– साठांच्या पाढ्यापरस कठीण ?
– चल, चल शाळा चुकत तुकां.
(खजील जावन)
– अेडीसन ! फेडीसन !
– शाण्यान ह्या भुरग्यांचे वाटेक वचप ना.
अेक्कूय थिगळी दवरपाक ना.
येस-फेस, येडीसन-फेडीसन.
(पोटार हात भोंवडायता)
– दनपार जाली.
पोटांत बोबो पडल्यो.
घरा आनी जेवपाक वचप ना.
रित्या हातीन वयतलों कसो ?
रामाच्या हॉटेलानूच कितेंय खावप.
(हॉटेलात वता. बसता. हांगा-थंय पळयता.)
– रामा, अेक बरीशी च्याव कर.
– सगळचो बऱ्योच ?
– म्हणपाची पद्धत रे ती अेक.
– खावपाक अेक कांकण.
(रामा, दुसऱ्यांक च्या हाडून दिता तेन्ना येसवंत आपणांक समजून हात मुखार करता. अशें दोन-तीन खेपे जाता. तो

भुकेन चाळावला.)

– आरे, म्हाका दी मरे.

– थार धर ?

– हांव केन्नाच्यान तिश्टतां हांगां.

– पर्वा ना मरे तुकां गिरायकांची.

– कितल्याचेंय गिरायक जायना ? पयलो येयल्ल्याक पयलें दी.

– कायदो–ले काय ना तर तुज्या हॉटेलान ?

(रामा च्या हाडून मुखार आदळटा. येसवंताच्या आंगार च्या अुसळटा.)

– केद्‌चान आदळटा रे ? गलास फुटल्यार पैशेय म्हाजेच कडसून फारीक करुन घेतलो.

– आंगार अुसळी च्याव. ओतता तूं चार थेंब. तितुंतले दोन भायर पडल्यार ताळयांत कितें पडपाचें ?

– जाय जाल्यार पींव ?

– जाय म्हणुनूच पितां. नाजाल्यार झरीचें अुदीक पितलों आसलों. दी कांकण.

(कांकण चायेंत बुडोवन भकाबक् करुन खाता.)

– अुदीक (पिता)

– आनींक (पिता)

(दोन–चार ग्लास अुदक पिता. पोटार हात भोंवडायत धेंकर दिता. तोंड तुवाल्याक पुसता. गल्ल्याकडेन वता.)

– कितले जाले ?

(कांचवेन)

– पंचेचाळीस पैशे ?

– कशे रे ?

– परत हिशोब कर.

– तोंडी जायना जाल्यार कागदार बरोवन कर.

– कितले जाले ?

– हात्तीच्या मारी ! तरुय पंचेचाळीस पैशे ?

– च्यायेचे कितले ?
– पंचीस पैशे ? बरें.
– आनी अेका कांकणाचे ?
– वीस ? कांकणान कितें आसलें रे त्या ?
सामकी नळी कशें पोकळ.
दाढेक तरी लागलां ?
– कसली म्हारगाय रे बाबा !
– घे. चाळीस पैशे काड. पांच पैशे येसवंताक सोड.
– पांच पैशे सोडल्यार. बोडाक वोंस घालची पडटली ?
– कोणाच्या ?
– घे
(पैशे दिता.)
(आपणा भितर)
– म्हाजेकडेन दर अेकलो वांटपण करता.
हांयें मात खंय वांटपण करूंक फावना.
संवसारूच अुरफाटो जाला.
गरीबाक आदारूच ना.
लकणशी येता.
ह्या आंब्यापोंदा मातसो आड पडल्यार बरो.
(आंब्यापोंदा तुवालो हाथरून न्हिदता. घोरेता. कांय वेळान अकस्मात अुठटा. ताच्या पोल्यार कावळयान वयरसून हळशीक केल्या.)
– शी !
पाड पडों ह्या कावळयाचें. जीस्त पोल्यार...
तरी बरें तोंडांत वडयलेंना.
पाड पडलेल्यांक फारान मारपाक जाय.
आरे, तिळसांज जाली.
आतां खंय वचप ?

(पैशे मेजता. तोंडार मुमुरखो हांसो)

– आनींक खंय वयतलों ?

पावलां व्हरता थंय वयपाचें.

(तावर्नार वता. धादोसला)

– भगवंता,

कसो आसा रे ?

– सोरो आसा मरे ?

– कितलें कार्गे जाय ?

– फकाणां करता रे गरीबाचीं ?

राव, कार्ग्यांनीं पिवपाचे आमचेय दीस येतले.

– दी. अर्दपाव.

(तोंड कोडूक करून पिता. 'ख्यँक' करून कुशीक थुंकता.)

– कुशीकूच थुंकलां रे.

तितलें धंगण आसा म्हाका.

सामकोच मनीसकाडो न्हुरे हांव,

जाणां मरे भगवंता.

– आरे, काशिनाथ मरे.

कसो आसा ?

– आयज पाडपाकबी आसलो काय कितें रे ? हय तर. नाल्लबी घेवन येयला. बरे मोटे कळसो कशे नाल्ल !

सगळे पिवपाखातीर लाटप काय कितें रे ?

आमी आसां आं वाट्याक.

– काशिनाथाच्या खुस्तार अेकदीस पिवचेना जाल्यार आनीक कोणा दळीद्र्याच्या खुस्तार पितले ?

– तुज्या हाती–पायांक बरें मागूंक जाय.

ह्यालीं बरोच भागलो मरे तूं. सारको खायना जेयना काय कितें रे ?

पाडेल्यान म्हणटा तें भरपूर जोडचें आनी दोनूय हातीन ओडचें (खांवचे अशा अर्थान) दनपारचें जेवण हेळावंक फावना.

नाजाल्यार म्हाकां पळय रे.
– भगवंता,
ओत आमकां दोगांकूय.
दोन पाव. काशिनाथाच्या खुस्तार!
(काशिनाथ ताका धुकलता. तो झिडपता)
– आरे, म्हाका धुकलून वडयता ?
– कोण फुकटो ?
– आरे, पयलीं पावभर घाल आनी मागीर म्हण फुकटो.
(काकळुटेन)
– घालता ?
(नेटान)
– ना मरे? मागीर फुकटो कोणांक म्हणटा ?
– धुकलता म्हणजे कितें रे ?
– तुजें कोणें घेवन खाल्लां?
– चड जालें ? कित्याक जांवचे ना ?
– तुयें म्हाज्या आंगाक हात कसो लायलो ?
येसवंताक धुकलून पावळेभायर कसो शेवटीलो ?
– तुज्या – काशीनाथाच्या घोटभर सोऱ्याच्या केन्ना देपोसावान आसां हांव ?
– तुजो सोरो पिवपाक हारेला कोण ?
येसवंतान परीक्षा पळयली तुजी.
तुजी दानत जगजाहीर जाली.
तूं हारलो.
नापास.
फे ऽ ऽ ल.
येसवंत ऑर्दीद मनीस.
छप्पन्न थिगळी !
– भगवंता,
अे, भगवंता,

आरे, येद्यान तुकां सादयतां. खरेलो भगवंत लेगीत अुलो आय-
कोन धर्तरेर येत.

– ओत,

येसवंत आपणाल्या घामा कश्टांचें पितलो. कोणांतल्या पोशांतलें
पिवचोना.

जाय तितलें पितलो.

भगवंता, तुकां कोपां भरून दितनां खरस लागतली.

(ल्हवूच)

– फकत अर्दपाव ओत.

– पैशे ?

आरे, तुकां केन्ना पानदुडवाक फटयला?

ताळचान ओतचे आदींच पैशे ?

तुजे गादयेर ले-कायदो-कांय ना कांय किते रे ?

अशें! ले-कायदो शिवाजी म्हाराजाचे गादयेर !

शिवाजी म्हाराज! म्हाका धुकलून वडयता.

– घे पैशे. सारके आसा रे.

– तुकां नागोवन कोणांचें बेंस मोलांवक वयतलों ?

(पिता आनी भायर सरता)

– चल्लों हांव.

म्हाका धुकलून वडयता ? शिवाजी म्हाराज काशिनाथ!

हांव भीक घालीना कोणांक.

हांव अन्नांक पादीशेर जायत पुण छप्पन्न थिगळी!

(लकत लकत चालता)

– आगे भजेकान्नी, सोड-सोड भजीं कायलीन.

बरीं जांवनी तोरींद.

घाम कायलीन वडयशी.

तेल सारकें निस्तय.

(अुकणया बसता)

– पळोवया करीं भाजल्यांत तीं.

(अेक काडून तोंडान वडयता. 'हाय–हुय' करून खाता)

– फसकलास! फसकलास!
बारकेलें सगुणें बरें मिटक्यो मारीत खातलें.

– रुपयाचीं ?
राव, पळोवया कितले अुल्ल्यात ते.
अुल्लेल्या सगळ्या दुडवांची भजीं व्हरोया बारकेल्याक-सगुण्यांक.

– पळोवया सगुण्याच्या नशिबांत कितें आसा तें.
(बोल्सांतल्यान पैशे काडटा)

– चार आणे. अितल्यांचीय दी.
(पैशे दिवन भजीं घेता. मेजता)

– कितें ?
भज्यांकूय अुजो पेटला?

– पांचूच भजीं?

– खाल्लें ते अेक ?

– अशें म्हटल्यार मोटेंशे खातलों असलों.

– ही पांच तरी आसा? काय म्हाका पिला म्हण चड दिसता?
पांचूय बोटांक पांच लावन पळोवया.
(तशें करता.)

– ह्यो भजेकान्नी आमच्या खुस्तार घराक भांगराचे नळे घालूंक आसा.
(जालें अंशा अर्थान)

– आतां बद्द घरा.
(आपणांकूच समजायता)

– येसवंता, आतां वाटे–तिटेक खंयच रावप ना. दिसता ते वाटेन सामको घरा. वाटूय सारकी दिसना मरे.
(झिडपता.)

– झिडपलों काय आनीक कोणें धुकलून वडयलो ?
शिवाजी म्हाराज – काशिनाथ !
अेक येसवंत आनी अेक परमेस्वर दोगूय कोमीनार जावन तुकां

पळोवन घेतले.
म्हाका धुकलून वडयता ?
सादो काश्टेकार पाडेली तूं.
म्हाका रेस्पेद आसा तितलो तुकां आसा ?
येसवंत सादो ?
छप्पन्न थिगळी !
येसवंताचें अुतर भायर वडोवपी आजून ह्या संवसारांत जल्मूंचो आसा.
(नेटान)
– द्रायव्हर बस थारय.
आं.
बस थाल्ली न्हू.
ही पोटली वयर घालतां: हांव सकल देंवसर अिस्टार्ड मारतलो न्हू.
येसवंतान सांगल्यार द्रायव्हर अिस्टार्ड मारता कों कों.
बाय,
पोटली चडयल्ल्याचे आठ आणें.
नाऽऽ नोऽ प्रेसार !
वांटपण येसवंताकडेन न्हू. बाकीच्या किरकोळ मानांयांकडेन.
अं. आठ आणें म्हणजे आठ आणें.
आरे,
भाटकार दुदीरमणा !
येसवंत तुकां दुदीरमणाच म्हणटलो.
भाटकार भागेल्यांक. येसवंताक तूं दुदीरमणाच.
सांग,
(हात कंबरार दवरून)
– कितें करपाचें ?
नाल्ल सोलपाक जांवचे ना.
आळीं काडपाचे काम हांयें बंद केलें.
हो साक गिरणीर जाल्यार व्हरतां.

परत तांदूळ हाडचो ना.
अेक फावट.
अेके फावटीचो रुपया अेक.
पयलीं रुपया हातीर. तेबगार साकाक बोट लायना.
तुमी भाटकार कितें समजले ?
मानाय म्हणजे चंदनाचें काश्ट ?
झरोवन झरोवन आंगाक सारपाचें ?
वडय रुपया.
(जिखिल्ल्याच्या नेटान)
– कितें करतलो दुदीरमणा ?
येसवंता बगर पान हाल्ना.
हातीर आख्खो सुब्रो.
(व्हदळचो भुरगो आसा अशें धरून)
– अे,
अिस्टुडण, शाळगडो. हांगां यो.
येसवंताची परीक्षा घेता तूं ? कालचो पोर ?
हाड तुजो अेडीसन. अुजरावन काडटां.
अेडीसनान कसलो सोद लायलो जाणां ?
अेडीसनान आदोळेर खुबे कल्लावपाचो सोद लायलो.
जालें मरे ?
शंबरांतले शंबर मार्क म्हाका.
आतां तुजी पाळी.
पळोवया येसवंता मुखार तुजीं शाणेपणां.
– सांग,
किती दुणे साठ ?
– तीस दुणे साठ.
– आणखी किती साठ ?
– पंधरा चोक साठ.
– आणखी किती साठ ?

– धा सक साठ.
– आणखी किती साठ ?
– बारा पंच साठ.
– आणखी किती साठ ?
– साठ अेके साठ.
– आणखी किती साठ ?
(आपूण जिखलो अशा अर्थान)
– निवळ्ळो.
घाल, मडवळागेर धुवूंक घाल सगळें बरप.
तुज्या मास्तराक येसवंतागेर पाढे शिकोंक धाड. बाईच्या फाटल्यान लागों नाका म्हणजे.
येसवंत छप्पन्न थिगळी मरे !
(चलता)
– रामा,
रामा हॉटेलकार नायक,
येसवंत सांगता तें मोन्यांनी आयक.
अेक कडक च्या आनी धा कांकणां.
पयलीं म्हाका. नाजाल्यार तुजें हॉटेल आत्याचें पतें करून अुदेंतेचें अस्तंतेक घुंवडांवक आसां. आनी इतलेंय करुन मुखा-वयल्या दांतांची दोनूय बेसबरीं फळीं सारमानशेक घालूंक आसां.
(बसता)
– हांगां मार फडको.
दवर च्या.
– दांत भितर
पोट फाटीं.
घे.
धा कांकणां आनी अेक च्या.
अेक इसम चाळीस पैशे.
हय.

तितलेच.

ह्या चाळीस पैशांनी आनीक पांच पैशे घातल्यार हें तुजें आख्खें हॉटेल आनी आनीक पांच पैशे घातल्यार ह्या तुज्या दांतांच्या फळयासकट ह्या छप्पन्न थिगळी येसवंताच्यान तुकां विकतो घेंव येता.

– घेंव ?

घालूं बोल्सांत हात ?

नाका ?

भिलो.

घे चाळीस पैशे आनी खारवड्यार देमू तारयागेर वचोन बोंडाक बोंस घाल.

(झेतान चलता)

– आरे, कळाव जालो काय कितें ?

(हाताक घड्याळ आशिल्ले भाशेन दावो-अुजवो हात पळयता, झिडपिता.)

– ह्या मॅड इन इंगलंड घड्याळीचेर सारकीं वरांच कळना.

– शी ! णवांक क्वार्त फाल्त.

म्हाजी प्रिया घराकडेन वाट पळयतली.

हांव येयले बगर तोंडात साकरभाताचो गोटो वड़ोवचीना.

आनी माणकुलें सगुणें ?

म्हाजी वाट पळोवन न्हिदपाक लागतलें.

(ताकतिकेन)

– आगे भजेकान्नी, पांच रुपयांचीं भजीं दी. बेगीन.

हे घे पांच रुपया.

पांच रुपयांची ना.

चार रुपयांची दी. रुपया तुकां दवर. येसवंताच्या नांवार मार फोलग.

– आतां आनी चलोन वचप ना. डायरेक घोड्यार बसोन वचप.

(घोड्यार बसता आनी घोडो धांवडायेता. मदीं मदीं 'अँ ऽऽ अँ ऽऽ ' असो घोड्याचो आवाज करता.)

– प्रिये येसस्त्री,
तुजो राय तुजे भेटेक येता.
(घोडो धांवडायतानाच गायता.)

– प्रिये ऽ ऽ ऽ येसस्त्री,
गाळू नाकां दुकां
छप्पन्न थिगळी येसवंत
भेटोंक येता तुकां
(घरा पावता. घोड्या वयल्यान देंवता. घोडयाच्या भोंकार खोंट मारून घोड्याक धांवडायता. दारार मारता.)

– येसस्त्री,
ओ येसस्त्री.
दार काड.
कोण येयलां पळय.
तुजो घरकार !

– आरत दाखोंव काय म्हणटा ?

– नाका गो.

– व्हडलो पराक्रम करूना आयज.
फकत हो आख्खो गांव आयज दाव्या किरंगळीच्या बोटार नाचयला.

– दार काड.
केदो अुशीर गो.
(दार अुक्तें जाता ओणंव घालून भितर सरता.)

– बाय माणकुलें सगुणें राजकुंवर न्हिदलें ?

– अुठय तेका.

– भजीं हाडल्यां भजीं !

– कोणच्या तोंडाक चुट्टी लाय म्हणटा गो येसस्त्री ?

– घरकाऱ्याच्या मुखार बायल मनशेन नमळायेन रावचें.
पांयांतलीं व्हाण पांयांत तशें.

– हीं भजीं दी सगुण्यांक.
(बायल भज्यांर हात मारता. भजीं शिपडटा.)

– आं ?
देमायज जालें.

– सगळो गांव हांयें जाग्यार घातला
तुजे घडे निवळावपाक फाटीं ना.
छप्पन्न थिगळी !

– वाड म्हाका.
बासुमती तांदळांचें शीत वाड.

– कणयांचे शीता-गोटे भकोवपाक येसवंताक दळीद्र लागोना.

– आयज कितें जोडून हाडलां ?

– तुकां त्यो राटावळी कित्याक ?

– हांव घरकार.

– तू फकत रांदून वाडूंक बायल.

– मिजास सांग चुलीक. येसवंताक न्हू.

– रांद,

– बासुमती तांदूळ घालून रांद,

– येसवंत दाढेक धल्लेलें सोडूंक नकळों.

– अुगडास आसा ?

– कसलो ?

– आमच्या लगनाच्या पांचा दिसांचो ?
येसवंत जांवयांचे मावाड्या व्हरोन ' पांच दीस ' केल्ले. **बड्या** वयल्या पंचीस धेड्यांक घेवन गेल्लो येसवंत ऑर्गन.
दनपारां जांवयांक जेवंक आपयता.
येसवंत मेल्ले म्हातारेचें दूद पिला ?
येसवंतान सांगले,

आदीं जांवयांक भांगराची मुदी
ते बगर पानार बसचोना.
दनपारां पंचीसूय धेडे अुपाशीं न्हू !
मुदी हाडीना : येसवंत जेयना.
मुदी बोटाक चडल्या तेन्ना दनपारचें जेवण सांजेच्या पांचांक जेयल्या.

– कितें ? मुदी खाल्ली म्हणटा सोन्याक ?
– कित्याक खावचोना ?
– येसवंसाक भांगर म्हणजे कुंड्यापास्टः
– चल वाड.
– वाडीना ?
– तुजी फाट खोरजल्या काय-कितें ?
– खंयचें वाडूं म्हणजे ?
– कित्याक रांदूना ?
– तांदूळ नासले जाल्यार गंवाच्यो रोटयो करपाच्यो.
गंवूय नासले ?
रव्याचो सांजो करपाचो.
पिठयेचीं भजीं काडपाचीं.
मुगाचें कण्ण करपाचें.
चण्याची अुसळी करपाची.
दाळीचें मणगणें करपाचें.
येसवंताक जाय तें करपाचें येसवंताचे बायले.
– केलां मुगो ?
– आं. आतां कशें जालें ?
– वाड
(बायल फाटीर, हाता-पांयार मेळत थंय मारता येसवंत हाय-हूय करता.)
– आगो, पापणी हें कितें करता ?

– मणगणें वाडटा ?
– आवय ! आवय ! दुखता गो पापणी.
– कंबर मोडलें.
फाट फोडली.
भूज निखळ्ळें.
बोटां तोडलीं.
– आगो, शेजारी पाजारी आयकत जाल्यार कितें म्हणटले ?
– येसवंताक येसस्त्रीन माल्लो.
शी !
लज वयतली गो पापणी येसवंताची.
– भायर आंगणात पडटां वचोन हांव.
(घरांतल्यान भायर सरता. बरोच मार बसला. आशिकुशीक पळयता आनी बळच्यां नेट हाडून आड्डता.)
– पांयांतली व्हाण पांयांत.
येसवंताक शाणेपणां सांगताली ?
झोड काडलो तुजो.
येतिश्ट धाडायली तुकां.
तूं येसस्त्री, म्हाजी बायल म्हाका बाडचीना ? म्हाका लेखची ना ? म्हाका किंकोत करतली ?
खाल्लो ना. येतिश्ट पेट खाल्लो ना ?
फाटीच्यो सालत्यो देंवयल्यो.
(आपणाले फाटीची दूख सोंसता.)
– कंबर मोडून घातलें.
(कंबरांत दुखता.)
– बावळीं निखळोन वडयलीं.
(बावळीं दुखता.)
– पापणींचीं....
(आपणांली मोडिल्ली बोटां मेजून)

चारूय बोटां मोडून वडयलीं.
पड आतां हातरुणार.
(न्हीन्नळत जमनीर बसता.)
(कपलाक हात लावन)
– आपणाल्या संवसाराक दळिद्राचीं छप्पन्न थिगळां दसयिल्ल्या
कपल फुटक्या येसवंता,
तुयें सगळें राज्य जिखोन हाडलें
पुण तुज्यान पडभर तांदूळ हाडूंक जालें ना.

(सोंपता.)

पुंडलिक नारायण नायक हांचो
कोंकणी माचये वयलो नाट्याविष्कार

- रानसुंदरी (बालनाट्य)
- गांवधनी गांवकार (अेकांकी संग्रह)
- खण खण माती (नाटक)
- रक्त खेव (नाटक)
- राखण (नाटक)
- छप्पन्न थिगळी येसवंत (एकपात्री)

अुजवाडाक आयिल्ली हेर बरपावळ

- मुठय (कथा)
- पिशान्तर (कथा)
- बांबर (कादंबरी)
- अच्छेव (कादंबरी)
- गा आमी राखणे (कविता)

रोखडींच अुजवाडाक येतात

- चौरंग (अेकांकी संग्रह)
- गांवांतलो गंपू (किशोर नवलिका)
- मुक्तताय (नाटक)
- बंदी (नाटक)

माचयेर अेकपात्री येसवंत

पुंडलीक नायकांलो येसवन्त हो गोंयच्या अस्मितायेची एक जिती–जागती देख ! सभावाचीं छप्पन्न थिगळां मोठ्या अभिमानान मिरोवपी. ताचें एक एक थिगळ म्हळचारं एक एक तास ! म्हाळशे भशेन ताज्यो कळा. सकाळची एक, दनपारची एक तर तिनसांजची एक! ताचें चित्रण नायकांनी भौ खुबयेन केलां. समाजात प्रातळिल्ली अंधस्रद्धा, दळदीर आनी अशिक्षितपण हाका लागून गोंयच्या खोंपिनी जीण सारपी मनशां मानायपणांत समाधान मानून रावलीं. दळदिराच्या चिखलातल्यान तांका वयर काडपाच्यो व्हडल्यो व्हडल्यो आड्डी भाशणां सभानीं आमी जायत्या फावटीं मारतात, पुण अशे येसवन्त ठांय ठांय दिश्टी पडटात.

हो येसवन्त अशांचोच एक मोणयारी. गरीब दुबळयांचे दुख आमका डोळयांनी दिसता. तांची काकळुटूय आमकां येता, कारण आमी प्रतिष्ठित, गिरेस्त. पुण हें येवप बेठें येवपूच उरता. पुंडलीक नायकानी एक जागृत बरोवपी ह्या नाट्यान आमच्या सामकार गोंयच्या खोंपितल्या ह्या दारुण परिस्थितीचें चित्र दवल्लां.

‘ छप्पन्न थिगळी येसवंता ’चे पुस्तक रुपान दर्शन घडचे पयलीं, ताचें यथार्थ दर्शन गोंयचे माचये वयलो एक म्हालगडो तरनाटो भरत नायक हाणीं गोंयात एकपात्री रुपान घडोवन हाडलां. सुमार पाऊणवर आपणाल्या अभिनयाच्या ताकदीचेर भरत नायक प्रेक्षकांक जिखून घेता. एकपात्री सादर करपातलें तांचें हें जैत, तांच्या उतरांची फेंक आनी तांगेलो अभिनय हे सगलेंच सर्वांगसुंदर अशें ! आनी तो सर्वार्थान घडयला बाब दिगंबर सिंगबाळ हाणीं. पुंडलीक नायक, भरत नायक आनी दिगंबर सिंगबाळ ह्या त्रिमूर्तिनीं हो ‘ येसवंत ’ कीर्तीवंत आनी जैतीवंत केला हातूत इल्लीय अतिताय ना.

आता पुस्तक रुपान हो येसवंत गोंयच्या घरां कणकणी पावतलो. कविता, कथा, नाटक, कादंबरी हाचे वांगडाच बाब पुंडलीक नायक एकपात्री बरोवपांत ‘ येसवंत ’ जाल्यात अशें तोखणायेन म्हणचेंशे दिसता.

— रमेश सखाराम बरवे